Panaji

Regional News

04.06.2025,7.20pm

<u>मुखेलमंत्री दिल्ली</u>

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दिल्लीत केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव तशेच केंद्रीय रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांची भेट घेवन तरेकवार विशयांचेर चर्चा केली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे फुडारपणा खाला जीएसटी मंत्रीगटाची बसका जाली.जीएसटी मंत्रीगट बसके खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे बिरेस्तारा राती दिल्ली गेले. तांचे सयत सभापती रमेश तवडकार हे लेगीत दिल्ली गेले. शुक्रारा सकाळी सभापती तवडकार आनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांची भेट घेतली. तरेकवार प्रकल्पां खातीर राना मंत्रालयाची मान्यताय दिवपाचेर चर्चा जाली.मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांजे केंद्रीय रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांची भेट घेतली. कोकण रेल्वेच्या मुळाव्या सुविधांमदी वाड करपाची मागणी मुखेलमंत्र्यांनी केली.इतले मजगती दिल्लीत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे फुडारपणा खाला जीएसटी मंत्रीगटाची बसका जाली. जीएसटी येणावळीचो नियाळ घेवपा सयत राज्य आनी केंद्रांमदी समन्वय सादपाचेर बसकेत चर्चा जाली, अशी माहिती मुखेलमंत्र्यांनी ट्विट करून दिल्या.

<u>प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक</u>

मडगांव: स्वामी विवेकानंद हांचे विचार सगळया समाजाक उंचायेर व्हरुन दवरपी आसले त्याखातीर तांच्या विचारांचो वारसो जपप ही आयच्या तरणाट्या पिळगेची जबाबदारी आसा अशी प्रतिक्रिया भारतीय जनता पक्षाचे गोंयचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी उक्तायली. स्वामी विवेकानंद हांच्या नांवान मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरु केल्ल्या स्वामी विवेकानंद केंद्रात आयज विवेकानंदांची १२३ वी पुण्यतिथ पाळली. मडगावच्या ह्या विवेकानंद केंद्रात वाचनालय आनी संशोधन केंद्राखातीर तजवीज करतले अशें तांणी सांगलें.

आयच्या ह्या सुवाळयाक मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हेय हाजीर आशिल्ले. विवेकानंद हांचे पाय मडगावच्या भूंयेकय लागिल्ल्यान मडगावची भूंय पावन जाल्या अशे मत तांणी उक्तायले. शिकागोच्या धर्मसभेत वचचे आदी ख्रिस्ती धर्मशास्त्राचो अभ्यास करपाखातीर स्वामी विवेकानंद गोंयांत आयिल्ले आनी त्यावेळार तांचो राबितो मडगांवां आशिल्लो हाची याद ह्यावेळार काडली. ह्यावेळार कामत हांचे हस्तुकीं मडगाव रवींद्र भवन वाठारात चाफ्याचे रोपटे लायले. रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार हांणी सगल्याक येवकार दिलो तर पूनम बुधोलकार हांणी सगल्यांचे उपकार मानले.

## Nodel Agency

गोंय सरकारान  गोंय म्हायती तंत्रगिन्यान खात्याक राज्यातले telecom infrastrucure fast track करपाक nodel agency म्हण नेमला.

ह फांटभुयर गोंय म्हायती तंत्रगीन्यान खाते राज्यात mobile towers,  underground cabeling तशंच digital  connectivity  तशेंच digital साधन सुविधावीशी   It खात्यान चालीक लायील्ले e -portal वरवी  कामा जशे की ना हरकत दाखले,  तशेंच हेर कामा हाताळटली.प्रशासकीय सेवा बेगोबग लोकिमेरन पावच्यो, वेगवेगळ्या कामांचे अर्ज बेगोबग निकालातकाडचे, तशेंच internet चो उपग चडिन चड करून  प्रशासकीय कामा बेगोबेग जावचे म्हण IT खाते nodel agency म्हण काम सामाळटले.

## एलपीजी

नागरी पुरवठा आणि ग्राहक व्यवहार विभागाने द्रवरूप पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) सिलिंडरच्या पुरवठा आणि वितरणात काही गैरप्रकारांबद्दल चिंता व्यक्त केली आहे. यामध्ये कमी वजनाचे सिलिंडर, सुरक्षा सीलमध्ये छेडछाड आणि ग्राहकांच्या सुरक्षिततेला धोका निर्माण करणाऱ्या आणि ग्राहकांच्या हक्कांचे उल्लंघन करणाऱ्या इतर असुरक्षित वितरण पद्धतींचा समावेश आहे.या निष्कर्षांच्या पार्श्वभूमीवर, विभागाने गोवा राज्यातील सर्व एलपीजी ग्राहकांना सूचना जारी केल्या आहेत.

ग्राहकांना एलपीजी सिलिंडरचे वजन डिलिव्हरीच्या वेळी त्यांच्या उपस्थितीत केले जाईल याची खात्री करण्याचा सल्ला देण्यात येत आहे. सिलिंडरचे टायर वजन आणि निव्वळ वजन सिलिंडरवर प्रदर्शित केले जाते आणि ग्राहकांनी +/- १० ग्रॅम (डिलिव्हरी वाहनात उपलब्ध) अचूकतेच्या वजनाच्या स्केलसह क्रॉस-व्हेरिफाय केले पाहिजे.

तुटलेले, टेम्पर्ड किंवा सैल सुरक्षा सील असलेले कोणतेही सिलिंडर स्वीकारू नका. अधिकृत एलपीजी वितरकाकडून अखंड सुरक्षा कॅप आणि सील असलेले सिलिंडर स्वीकारा.डिलिव्हरी आणि बुकिंग स्थितीची सत्यता पडताळण्यासाठी संबंधित एलपीजी कंपनीचे मोबाईल ॲप किंवा एसएमएस/आयव्हीआरएस सिस्टम वापरा आणि ग्राहकाला डिलिव्हरी पावतीवर छापलेल्या तेल विपणन कंपन्यांनी विहित केलेल्या रकमेव्यतिरिक्त कोणतीही अतिरिक्त रक्कम भरावी लागणार नाही.

ग्राहकांना वितरकांकडून एलपीजी सिलिंडरची डिलिव्हरी करण्याचा सामान्य मार्ग फक्त "होम डिलिव्हरी" आहे. डीलर्स/वितरक ग्राहकांना फक्त "होम डिलिव्हरी" करतात. डीलर्स/वितरकांना सक्षम अधिकाऱ्यांच्या मान्यतेशिवाय विहित केलेल्या रकमेव्यतिरिक्त कोणतीही रक्कम आकारण्याची परवानगी नाही.

सिलिंडर चोरीचा संशय, जास्त वजन असलेले सिलिंडर, सुरक्षिततेतील त्रुटी आढळल्यास खालील क्रमांकावर तक्रार करता येईल: संपर्क क्रमांक: ०८३२-२२२६०८४/१८००२३३०६०६, ईमेल: csi-hq.goa@gov.in/dir-csca.goa@nic.in.

विभागाने सर्व नागरिकांना जागरूक राहण्याचे आणि जागरूक ग्राहक म्हणून त्यांचे अधिकार वापरण्याचे आवाहन केले आहे. एलपीजी ही एक अत्यंत ज्वलनशील आणि आवश्यक वस्तू आहे जिथे तिचे सुरक्षित आणि न्याय्य वितरण ही पुरवठादार आणि ग्राहक यांच्यात सामायिक जबाबदारी आहे.

<u>अमित शाहा</u>

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज पुण्यांतल्या राष्ट्रीय संरक्षण अकादेमीच्या आवारांत महान मराठा झुजारी पयल्या पेशवा बाजीरावच्या पुतळयाचें अनावरण केलें. हेवेळार तंणी सांगलें (बाइट्स 30 सेक )

<u>वीज पुरवण</u>

ता. 7 जुलय 2025 दिसा 11 केव्ही सांगे फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.30 वरा मेरेन वरकट्टो, पिराराज, झरीवाडो आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.तशेंच ता. 8 जुलय 2025 दिसा 11 केव्ही सांगे फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.30 वरा मेरेन दांडो, पेट्रोल पंपा लागी आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

<u>रोजगार सलग्न प्रोत्साहन</u>

रोजगार निर्माण, रोजगारक्षमता आनी सामाजिक सुरक्षा वाडोवपा खातीर केंद्र सरकारान रोजगार सलग्न प्रोत्साहन (ELI) येवजण मंजूर केल्या. रोजगार निर्मितीक मजत करपा खातीर हे येवजणे अंतर्गत कर्मचाऱ्यांक आनी मालकांक प्रोत्साहन दितात. हे येवजणे अंतर्गत पयले फावट काम करपी कर्मचाऱ्यांक एका म्हयन्याचो पगार (15,000/- रुपयां मेरेन) मेळपाक शकता आनी मालकाक अतिरिक्त रोजगार निर्मिती खातीर दोन वर्सां मेरेन सुविधा दितले, तशेंच उत्पादन क्षेत्रा खातीर आनीक दोन वर्सां खातीर वाडीव लाव दितले.ईपीएफओ कडेन पयले फावट नोंदणी करपी कर्मचाऱ्यांक 15,000/- रुपयां मेरेन एक म्हयन्याचो ईपीएफ पगार

दोन हफ्त्यांनी दितले. 1 लाख रुपयां मेरेन पगार आशिल्लें  कर्मचारी पात्र आसतले. पयलो हप्तो 6 म्हयन्यांच्या सेवे उपरांत आनी दुसरो हप्ता 12 म्हयन्यांच्या सेवे उपरांत आनी कर्मचाऱ्यान अर्थीक साक्षरताय कार्यक्रम पुराय केले उपरांत दिवपात येतलो. बचतीची सवय लावपा खातीर प्रोत्साहन रक्कमेचो एक भाग थारावीक काळा खातीर  बचत खात्यात कायम ठेव म्हूण दवरतले आनी उपरांत  कर्मचारी ही रक्कम काडपाक शकतलो खास करून उत्पादन क्षेत्राचेर भर दिवन सगळ्या  क्षेत्रांनी अतिरिक्त रोजगार निर्माण करपाचो उद्देश आसा. 1 लाख रुपयां मेरेन पगार आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यां खातीर मालकांक प्रोत्साहन मेळटले. कमीत कमी स म्हयने सेगीत रोजगार आशिल्ल्या प्रत्येक अतिरिक्त कर्मचाऱ्यां खातीर सरकार मालकांक दोन वर्सां खातीर दर म्हयन्याक 3000/-  रुपयां मेरेन मजत दितले.  उत्पादन क्षेत्रा खातीर तिसऱ्या आनी चौथ्या वर्सा खातीर लेगीत दितले. ईपीएफओ कडेन नोंदणीकृत आशिल्ल्या आस्थापनांनी कमीत कमी स म्हयन्यां खातीर कमात कमी  दोन अतिरिक्त कर्मचारी (50 परस कमी कर्मचारी आशिल्ल्या मालकां खातीर ) वा पाच अतिरिक्त कर्मचारी (50 वा त्या परस चड कर्मचारी आशिल्ल्या मालकां खातीर ) कायम स्वरूपात नियुक्त करचे पडटले देशांत 2 वर्सांच्या काळात 3.5 कोटी परस चड नोकऱ्यो निर्माण करप हो रोजगार सलग्न प्रोत्साहन (ELI) येवजणेचे उद्दीश्ट आसा, जे खातीर  99,466/- रूपया खर्च अपेक्षित आसा आनी 1.92  कोटी पयले फावट लाभार्थ्यी अपेक्षित आसा.

हे येवजणेचो लाव 1 ऑगस्ट 2025 ते 31 जुलय 2027 मजगती  निर्माण जाल्ल्या नोकऱ्यांखातीर लागू आसतलो.